जातलो कसो? अश्यो जायत्यो देखी पानां-पानांचेर पळोवंक मेळटात.

अणकाराचीं दोन आंगां आसतात. एक भाशा-शैलीचें, दुसरें सामाजिक आनी सांस्कृतिक परिस्थितीचें. वयर सांगल्याप्रमाणे ताजो अणभव पावलागणीक येता. शाहचें उलोवप दादल्याचें भारदस्त, बायलांचें उलोवप भावनांनी चिंब आशिल्लें. सुर्वेच्या पानांनीच आजो भुरग्यांक काणी सांगता ती भाशा-शैली, फुडें गांवांत घडिल्ल्या झगडी-झुजां, खून-दरोडे हांची चौकशी करूंक आयिल्ल्या दरोग्याची भास, कोर्टांतल्या तपासाची भास, शाळांतलो शिक्षक आनी ताच्या विद्यार्थ्यांचें उलोवप, कोर्टाच्या भर दरबारांत उबें रावन विधवा बायलेन शाह बद्दलचें आपलें प्रेम कबूल करप (पान४८-५०), प्रत्येक फावट वेगळी विशेश शैली वापरप समर्थ लेखनाचो नमूनोच म्हणचेंर्शे म्हाका दिसता. विशेश म्हणजे जयंती बायेन तें बरोब्बर मॅच करत कोंकणींत मांडलां. तिणें कोंकणीक एक नवी शैली दिल्या. कृष्णा सोबती भशेन आपली एक शैली, आपलो एक इडीअम घडयला.

कादंबरीचें अजाप हांगांच सोंप ना (बात यहीं खतम नहीं होती). अणकाराचें दुसरे आंग आसा सामाजिक आनी सांस्कृतिक परिस्थितीचें. ती तर सामकी आलायदी, वेगळी. तांच्या घरांफुडें आंगण आसता. शाहाच्या फुडें मात्शें व्हडलें. गांवकरी सलाम करूंक, आप-आपल्यो केशी, तक्रारी, सांगूंक थंय येतात आनी शाह थंय आपले मंजीचेर बसून सगली चर्चा करतात. शहानीक मेळूंक जाय जाल्यार वयर घराचे माळयेर वचून तिका सलाम सांगतात. माळयेक छत आसता. थंय सगळ्यो बायलो बसून सूत कताई करतात, शगुनाक लागपी वोडण्यो विणटात, ताचेर फुलकारी करतात. अशी हांच्या घरची मांडणी. आमगेल्या भशेन पडवी नाल्यार वोल्तेरां नासतात. आमचीं चौखीचीं घरां, बायलांचो वावर थंय.

सांगपाचें अशें कीं तांचीं घरा वेगळीं, न्हेसप पांगरप वेगळें (जोडे म्हणजे आमी



जाका पंजाबी ड्रेस म्हण्टात ते, पांगुरपाक वोडण्यो आमचे भशेन लुगडीं, पोलकां न्हय, दादलेय धोतर खमीस घालनात. सुरवार-कुडता घालतात पूण म्हत्वाची ती पगडी ती तांच्या मान सन्मानाचें प्रतीक), सण-वार वेगळे. तांचे सण म्हणजे बैसाखी आनी लोहडी. बैसाखी पीक-फसल कोठारांनी भरता तेन्ना आनी लोहडी संक्रांती वेळार. लोहडीचें वर्णन पान३६-३७ चेर पळोवंक मेळटलें. काणी एका गांवाची म्हणजे गांवांत वस्ती करून अशिल्ले सगळ्या तरेचे लोक आयले. मेस्त, लोहार शेतांत काम करपी कुणबी-मुंडकार, वस्त्रांक रंग लावपी रंगरेज, अशे हर तरेचे लोक शाहच्या उपयोगाक पडपी. शाहूय तांची काळजी घेवपी, बरें किर्तें जाल्यार तांकां खाणां बी दिवन तांची तुरत करपी. गांवांत हर तरेच्या धर्माचे लोक पूण मुसलमान चड. शेरांवालीच्या आनी ग्रन्थ साहेबाच्या दरबारांत मत्था तेंकोवपी पीर फकीरांच्या दरबारांतूय मत्था तेंकयतात. आंगवणी सांगून आशिर्वाद घेतात. लोकगीतांतूय जंय शेरांवली ची स्तुती आसा थंय पीर फकीरांचीं कवनां पळोवंक मेळटात. सांगपाचें कारण अशें देवळांत देवतेची भेट घेवपी आमकां कोंकण्यांक समजूचें अशेंच तरेन जयंतीबायेन तें सांगपाचो प्रयत्न केला. आमी मणगणीं, पायस खाता तर ते तांदूळ भडून केल्ली फिरनी, तर्शेंच सुरबुस शिजयिल्ल्या शिताचेर भरपूर तूप आनी साखर घालून वयर कातरिल्ले बदाम उडौन घोस्तान खातात. हें सगळें कोंकणींत सांगपाक जयंती बायची कितली भंबेरी जाल्या जातली विचार करून पळयात. आमचे म्हऱ्यांत आयिल्ली जिंदगीनामा तोखेवप कांय ना तें. चाली रिती वेगळ्यो, बरें वायटाच्यो समजूती वेगळ्यो.

सांगपाचें अशें कीं ही अशी सामकी वेगळी परिस्थिती आसल्यान जयंतीबायक कितल्यो अडचणी आयल्या जातल्यो! तिका असंख्य उतरांचो शोध घेवचो पडला जातलो. कोंकणींत सांगताना त्यो अडेच्यो दिसूंक जाय ना. कोंकणी वाचकांनी त्यो मान्य करून घेवंक जाय. तीं मूळ संहिते कडल्यान पयस वचूंक जाय ना. एक ना दोन. असंख्य वेळार हें आपल्याच्यान जावचें नाशें दिसलां जातलें. कादंबरी वाचताना कळटा कीं अणकार करताना ती जिन्दगीनामामय जाल्या जातली. Hats of to you Jayanti baay.

तरी वाचतकेर दिसलें की जयंती बायेन कादंबरींतल्या सामाजिक आनी सांस्कृतीक परिस्थितीचो, अणकारप्याची गरज म्हण परिचय करून दिवंक जाय आशिल्लो म्हणजे कादंबरी वाचताना किर्तें एक्सपेक्ट ताजो अंदाज करूं येता.

सगल्या छापील पुस्तकांची ही कथा. बरेचकडें मिस प्रींट पळोवंक मेळटा पूण ती क्षुल्लक बाब.

कित्याक हुस्केवप कोंकणीचें कशें जातलें म्हण? अश्यो साहित्यीक रचना मुखार आयल्यार कोंकणीक केन्नाच मरण ना.

**जिन्दगी नामा**
मूळ हिंदी : कृष्णा सोबती
कोंकणी अणकार : जयंती नायक
प्रकाशक : साहित्य अकादमी, दिल्ली.
प्रकाशन वर्स : २०१५
पानां : ४४३, मोल रुपया २००/-